गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाक प्रधानमंत्र्यांची उपस्थिती

## प्रधानमंत्र्या कडल्यान गोंय सरकारान केल्ल्या प्रगतीची तोखणाय

ता. 19 डिसेंबर 2021

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी गोंय सरकारान राज्यांत सामाजीक आनी साधनसुविधांच्या मळार केल्ल्या विकाची तोखणाय केली. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी आयज डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमात आयोजीत ६० व्या गोंय मुक्ती दीस वर्स सुवाळयात उलयताले.

प्रधानमंत्री श्री. मोदी हांणी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखालच्या गोंय सरकारान राज्याची अर्थवेवस्था सुदारपाच्या बाबतीत केल्ल्या प्रयत्नांचीय तोखणाय केली. गोंय सरकारान स्वयंपूर्ण गोंय अभियानावरवीं राज्यांत केल्ल्या वावराचीय तोखणाय केली आनी हो उपक्रम लोकांच्या विकासा खातीर देशांतल्या हेर राज्यांक एक खास उदाहरण आशिल्ल्याचें म्हणलें.

सैमाच्या सोबितकायेत भरिल्ल्या गोंय राज्यान मुक्ती उपरांतच्या काळांत सामाजीक आनी धार्मिक सलोखो आनी

शांतीकाय राखून दवरपाखातीर केल्ल्या प्रयत्नांचोय तांणी उल्लेख केलो.

प्रधानमंत्र्यान गोंय मुक्ती चळवळीतल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी हुतात्म्यांक नमन केलें. गोंय मुक्ती चळवळ ही देशाच्या इतिहासातली खास चळवळ आसून ती लोकांक सदाच देशभक्तीची प्रेरणा दितली. गोंय मुक्ती चळवळ ही एकता आनी अखंडतेचो पुरावो आसा, अशें तांणी म्हणलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय राज्यांन साबार मळांर केल्ल्या उदरगतीची म्हायती दिली. सरकारान 63 कल्याणकारी येवजणांची अंमलबाजावणी करून तांचो लाव लोकांच्या दारामेरेन पावोवपाचो यशस्वी प्रयत्न केल्ल्याचे तांणी सांगलें. सरकार युवकांच्या आनी महिलांच्या विकासाखातीर सतत काम करता म्हणपाचें सांगून युवकांखातीर रोजगाराच्यो संदी निर्माण करपाचेर भर दिल्ल्याचे तांणी सांगलें. सरकार वेगवेगळयो सुविधा उपलब्ध करून युवकांक आपरोजगाराखातीर प्रोत्साहन दिता, अशेंय तांणी सांगलें.

सुवाळयात प्रधानमंत्र्याहस्तुकीं नूतनीकरण केल्ल्या आग्वाद जेल म्युझियम, गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचो सुपर स्पेशालिटी ब्लॉक, दक्षीण गोंय जिल्हा हॉस्पिटल, मोपा

विमानतळावयले एव्हिएशन स्किल डेव्हलपमेंट सेंटर आनी नावेली हांगाच्या  गॅस इन्सुलेटेड उपकेंद्र अशा 650 कोटी खर्चाच्या   साबार विकास प्रकल्पांचे व्हर्च्युअली उक्तावण जाले.

तशेंच बार कौन्सिल ऑफ इंडिया ट्रस्टच्या भारत आंतरराष्ट्रीय कायदो विद्यापीठ आनी संशोधन केंद्राची  पायाभरणीय तांणी केली.

ह्या सुवाळयात प्रधानमंत्र्याहस्तुकीं स्वायंत्र्य सैनिक नामदेव उगवेकर, जगन्नाथ शिरोडकर, गुरूदास कुंदे, रोहिदास नाईक, ज्योकिम पिंटो, गोविंद चिमुलकर, श्रीमती शारदा सावईकर हांचो सत्कार केलो. तशेंच उत्कृश्ट काम केल्ल्या स्वयंपूर्ण मित्रांचोय सत्कार केलो.

प्रधानमंत्र्याहस्तुकीं टपाल खात्याच्या गोंय मुक्ती हिरक महोत्सवी वर्साच्या खास तिकीटाचे  आनी मेघदुत पोस्ट कार्डाचे विमोचन जालें. तशेंच सरकारान केल्ल्या प्रगतीच्या आनी येवजणांच्या म्हायती पुस्तिकेचेय प्रकाशन जालें.

सुवाळयाक राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई, केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक,  उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर, श्री. मनोहर आजगांवकर, सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, वीजमंत्री निलेश काब्राल, महसूलमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, उदकास्त्रोत मंत्री फिलिप नेरी रॉड्रिग्स, भलायकीमंत्री विश्वजीत राणे, विज्ञान आनी तंत्रज्ञानमंत्री

मायकल लोबो, भौशीक बांदकाममंत्री दिपक पाऊसकर, राज्यसभा खासदार विनय तेंडुळकर, ईडीसीचे अध्यक्ष सदानंद तानावडे आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

श्रीमती रूपा च्यारी आनी श्री. गोविंद भगत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1063

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji